# साहित्य अकादेमीची 'ग्राम लोक' कार्यावळ 27 वेर

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पेडणें :** साहित्य अकादमी नवी दिल्लीन तुयें पंचायत आनी कोंकणी कलामाची पेडण्यां हांच्या जोड पालवान आयतार, 27 एप्रीलाक पंचायत सभाघरांत 3.30 वरांचेर 'ग्राम लोक' कार्यावळीचें आयोजन केला. गांवगिऱ्यां वाठारांतल्या साहित्यीकांक आनी लोक कलाकारांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान साहित्य अकादमी नवी दिल्ली ग्राम लोक कार्यावळी वरवीं जन जागरुताय करता.

आयतारा तुयां जावपी ह्या कार्यावळीचे अध्यक्ष नामनेचे साहित्यीक आनी साहित्य अकादमी सर्वसाधारण मंडळाचे वांगडी डॉ. पूर्णानंद च्यारी हाजीर आसतले. ते भायर तुयेंची सरपंच अनिता आनंद साळगांवकार, उपसरपंच मनोहर पेडणेंकार, कोंकणी कलामाची पेडणेंचे अध्यक्ष प्रकाश तळवणेंकार आनी साहित्य अकादमीचे कोंकणी सल्लागार मंडळाचे वांगडी शशिकांत पुनाजी हाजीर आसतले.

'ग्राम लोक' कार्यावळींत कथाकार संतोष महाले कथाकथन, प्रा. प्रियांका परब काव्यवाचन आनी पेडणेंच्या लोकवेदाचेर विवेचन करतली. अद्वैत साळगांवकार आपल्या निबंधाचे सादरीकरण जाल्यार सायली आजगांवकार काव्यवाचन आनी जॉकीम फर्नांडीस साहित्य अणभव कथन करतले. मैथिली शामसुंदर च्यारी गायन करतले. लोकवेध दर्शनांत लोककलाकार अशोक नायक हांच्या नेतृत्वा खाला तुयेंचें लोककलाकार रोमट, काजरेश्वर महिला सेल्फ हेल्प ग्रुप तुयें पुनम संतोष नायक हांच्या नेतृत्वा खाला फुगडी सादर करतली. मांगिरीश विद्यालय आरोबाचे विद्यार्थी लोकनाच सादर करतले. कार्यावळीचे संयोजन पंच उदय मांद्रेंकार करतले. ही कार्यावळ सगल्या खातीर उक्ती आसा अशें आयोजकांनी कळीत केला.